**राज्यपालांची वारसा घरांक आनी शेती लागवडीक भेट**

ता. 14 फेब्रुवारी 2020

राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांणी काल उत्तर गोंयच्या बार्देस म्हालातल्या गोंगरे गांवच्या श्री. कायतान एन. डिसौजा आनी माजलवाडा-आजगांवच्या श्री. आर्मांद ब्रागांझा हांच्या वारसा घरांक भेट दिली. राज्यपालान घरमालकांकडेन वारसा घरांच्या बांदकामांचो काळ आनी देखभाली संदर्भात चर्चा केली. राज्यपालान अशा वारसा घरांच्या मालकांचो राष्ट्रीय दायज दिसा राजभवनाचेर भोवमान करपाक अनुकूलता दाखयली.

त्या उपरांत राज्यपालान तिसवाडी म्हालातल्या खोर्ली गांवातल्या शेतांनी भेट दिवन लागवडीची पळोवणी केली आनी पंचायत सभाघरात आयोजीत कार्यक्रमात शेतकांर आनी लोकप्रतिनिधीं वांगडा शेती संबंदीत प्रस्नांचेर चर्चा केली.

राज्यपालान शेतकारांक पडीक जमीन लागवडीखाला हाडपाची सुचोवणी केली. तशेंच तांणी ब्राझिलात खाऱ्या उदकान नापीक जाल्ली जमीन परत लागवडीखाला हाडपाक यशस्वी जाल्ल्याचे सांगून शेतकी खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी शेतकारांक घेवन ब्राझिलात भेट दिवपाचीय सुचोवणी केली.

बांद आनी मानशेंची दारां दुरूस्त करपाविशीं आपूण मुख्यमंत्री आनी हेर मंत्र्यांकडेन उलयतलो म्हणपाचे उतर राज्यपालान दिले. गोंयच्या उकड्या तांदळाक देशाच्या हेर वाठारांत बरी मागणी आशिल्ल्याचे सांगून राज्यपालान शेतकारांक भाताचे उत्पादन वाडोवपाक सांगले.

उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती आर. मेनका, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी-2 श्री. गोपाळ पार्सेकर, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी-3 श्री. महादेव आरोंदेकर, शेती संचालक श्री. माधव केळकर, उपजिल्हाधिकारी श्री. विवेक एच. पी.,श्री. अशोक पोतेकर, श्री. मामू हगे, मामलेदार श्री. लक्ष्मीकांत कुट्टीकर, श्री, फ्रँकलीन फॅर्राव, तलाठी श्री. विराज सांगोडकर, विभागीय शेतकी अधिकारी श्रीमती निलम गांवस आनी हेर अधिकारी राज्यपाला वांगडा हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/140

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA